**प्री-मॅट्रीक आनी पोस्ट- मॅट्रीक शिश्यवृत्ती खातीर अर्ज करपाक मुजत वाड**

ता. 14 जानेवारी 2021

समाज कल्याण संचालनालया वतीन अनुसुचीत जाती आनी हेर मागास वर्ग समाजातल्या विद्यार्थ्यां खातीर प्री-मॅट्रीक, पोस्ट-मॅट्रीक शिश्यवृत्ती येवजण आनी आर्थिक मागास वर्गांतल्या विद्यार्थ्यां खातीर डॉ. आंबेडकर पोस्ट मॅट्रीक शिश्यवृत्ती ह्या केंद्र पुरस्कृत येवजणांची अंमलवजावणी करपात येता.

अनुसुचीत जाती, हेर मागास वर्ग आनी आर्थिक मागास वर्गांतल्या सगळ्यां विद्यार्थ्यांक कळोवपात येता की ह्या येवजणेखातीर अर्ज धाडपाची मुजत ता. 31 जानेवारी 2021 मेरेन वाडयल्या. अनुसुचीत जाती/ओबीसी/ईबीसी विद्यार्थांनी www.swportal.goa.gov.in ह्या राज्य शिश्यवृत्ती पोर्टलावयल्यान अर्ज धाडचे.

पात्रतायेचे निकश आनी हेर सविस्तर म्हायती सामाजीक न्याय आनी सबलीकरण मंत्रालयाच्या www.socialjustice.nic.in आनी समाज कल्याण संचालनालयाच्या www.socialwelfare.goa.gov.in ह्या वेबसायटीचेर उपलब्ध आसा. सगळ्यो शाळां/संस्थां/महाविद्यालयांनी विद्यार्थ्यांच्या ऑनलायन अर्जांची तपासणी करपाक जाय.

अर्ज अपलोड करपाक कसलीय तांत्रिक मदत जाय आसल्यार शाळां/संस्थां/महाविद्यालयांनी ९६०७९६३०८९ ह्या हेल्प डेस्क नंबराचेर वा समाज कल्याण संचालनालयात 2232257, 2223784 ह्या फोन नंबराचेर संपर्क करचो वा socialwelfaregoa@rediffmail.com ह्या ई-मेलाचेर भेट दिवची.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2021/65

--
Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji